राजश्री कामत  राष्ट्रीय खबरो  31.10.2025 @ 8.40 AM

आयरन मॅन म्हण जाका वळखतात ते सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या 150व्या जयंती निम्तान पुराय  देश तांका  श्रद्धांजली ओपतां.

आयज दनपारां नवी दिल्लीत  रोहिणीं हांगा जावपी आंतरराष्ट्रीय आर्य शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावतले .

टीम इंडियान बलाढ्य ऑस्ट्रेलियन पंगडा आड सनसनाटी खेळ करून इतिहास रचलो आणि २०२५ च्या ICC विश्वचषक स्पर्धेच्या  अंतिम फेरयेत धडक मारली.

पटेल 270

आयरन मॅन म्हण जाका वळखतात ते सरदार वल्लभभाई पटेल हांच्या 150व्या जयंती निम्तान पुराय  देश तांका  श्रद्धांजली ओपतां. स्वातंत्र्या उपरांत भारताक एकठांय हाडपाक सरदार पटेलान केल्ली स्मरकीय भुमिका याद करपाक  हो दीस राष्ट्रीय एकता दिवस वा राश्ट्रीय एकता दीन म्हणून मनयतात.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी राष्ट्रीय एकता दिवस उत्सवांत वांटो घेवन सरदार वल्लभभाई पटेलाक फुलांची श्रद्धांजली ओपतले. एकता दिवसाची प्रतिज्ञा घेतले आनी एकता दिवस परेडात वातेकार  जातले. हे परेडांत BSF, CRPF, CISF, ITBP आनी SSB, पंगड तशेंच राज्यांतल्या वेगवेगळ्या पुलीस दळांचो आस्पाव जातलो. अंदूच्या खाशेलपणां मदीं बीएसएफ मार्चिंग बॅंड, जातूंत रामपूर हाउंड्स आनी मुधोल हाउंड्स सारकिले भारतीय जातीच्या सुण्यांचो आस्पाव आसा, गुजरात पुलिस हॉर्स कॉन्टींजंट, आसाम पुलिस मोटारसायकल डेअरडेविल शो आनी बीएसएफ कॅमल कॉन्टींजेंट आनी कॅमल माउंटेड बॅंड हांचो आस्पाव आसा . तशेंच झारखंडांत नक्सल विरोधी कारवाय आनी जम्मू-काश्मीरांतल्या आतंकवाद विरोधी कारवायांनी अपवादात्मक शौर्य दाखोवपी सीआरपीएफचे पांच शौर्य चक्र पुरस्कार आनी बीएसएफचे सोळा शौर्य पदक जिखपी लोकांचोय परेडांत भोवमान जातलो. तशेंच ऑपरेशन सिंदूर वेळार बीएसएफ कर्मचाऱ्यांनी केल्ल्या शौर्या खातीर तांचो भोवमान जातलो. अंदूच्या राष्ट्रीय एकता

दिन परेडांत NSG, NDRF, गुजरात, जम्मू आनी काश्मीर, अंदमान आनी निकोबार जुंवे, मणिपूर, महाराष्ट्र, छत्तीसगढ़, उत्तराखंड आनी पुडुचेरी हांचे धा चित्ररथ आसतले, जें 'विविधतायेंत एकवट' ह्या विशयाचेर आदारीत आसतले. ९०० कलाकारांचो आस्पाव आशिल्ल्या सांस्कृतीक कार्यावळींत भारतीय संस्कृतायेची गिरेस्तकाय आनी विविधताय दाखोवपी भारतांतले शास्त्रीय नृत्य सादर करतले. अंदू देशभरांत सरदार वल्लभभाई पटेलाची 150वी जयंती मनयतात म्हणून राष्ट्रीय एकता दीन सुवाल्याक खाशेलें म्हत्व आसा.

केंद्रीय गृहमंत्री अमित शहा यांनी राष्ट्रीय एकता दिसानिमित्त गुजरातातल्या केवडिया हांगा आज जावपी एक भारत, श्रेष्ठ भारताचे प्रतीक आशिल्ली एक भव्य एकता परेडीच्या आयोजना विशी उलयताना सरदार वल्लभ भाई पटेल हांचे सारक्या म्हान व्यवतीमत्वाची कॉंग्रेसीन केन्ना दखल घेतली ना पुण प्रधान मंत्री नरेंद्र मोदी हांणी statue of unity पुतळो उबारून तांचो फाव तो मान राखलो अशे म्हणले Byte

Pm 50

आयज दनपारां नवी दिल्लीत रोहिणीं हांगा जावपी आंतरराष्ट्रीय आर्य शिखर सभेंत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाजीर रावपाचे आसात. महर्षी दयानंद सरस्वती हांच्या २००व्या जयंती आनी आर्य समाजाच्या समाजसेवेच्या १५० वर्सांचो उगडास करपा खातीर ज्ञान ज्योती महोत्सवाचो हो एक मुखेल भाग. मोदी ह्या निमतान मेळाव्यात उलयतले. शिखर सभेंत भारत आनी परदेशांतल्या आर्य समाजाचे प्रतिनिधी एकठांय येतले

वैष्णव 60

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी देशभरांतल्या वेगवेगळ्या रेल्वे स्टेशनांचेर 76 प्रवासी होल्डिंग वाठार तयार करपाचे येवजणेक मान्यताय दिल्या. नवी दिल्ली

रेल्वे स्टेशनाचेर प्रवासी होल्डिंग क्षेत्राच्या यशा उपरांत हो निर्णय घेतला. देशभरांत नियोजीत केल्ले नवे होल्डिंग क्षेत्रा मॉड्यूलर डिझायनाचे अनुसरण करतली आनी थळावी परिस्थिती मतींत दवरून ती बांदतले अशें रेल्वे मंत्रालयान सांगलें. 2026 वर्साच्या सण हंगामा आदीं सगळे होल्डिंग क्षेत्रा पुराय करची अशें निर्देश मंत्र्यान दिल्यात.

AI 90

कृत्रिम बुद्धिमत्तेचो अभ्यासक्रम सगल्या शाळांनी तिसऱ्या वर्गा पासून सुरू जातलो अशें केंद्रान सांगलां. जटिल आव्हानां सोडोवपा खातीर कृत्रीम बुद्धिमत्तेचो नैतीक वापर करपा दीकेन हो उपक्रम एक नवे पूण म्हत्वाचें पावल आसा अशें शिक्षण मंत्रालयान सांगलें, कारण तंत्रज्ञानाची सुरुवात तिसऱ्या वर्गापासूनच सुरु जातलें. कृत्रिम बुध्दीमत्ता आनी संगणकीय विचारसरणी हांकां लागून शिक्षण, विचार आनी शिकोवपाची संकल्पना घटमूट करतली आनी ल्हवू ल्हवू भौशीक बऱ्या खातीर कृत्रिम बुध्दीमत्ता कल्पनेचो विस्तार जातलो अशें तातूंत म्हणलां. कृत्रिम बुध्दीमत्ता आनी संगणकीय विचारसरणी अभ्यासक्रम विकसीत करपा खातीर केंद्रीय माध्यमीक शिक्षण मंडळ CBSEन आयआयटी मद्रासचे प्राध्यापक कार्तिक रमण हांच्या फुडारपणा खाला तज्ञ समिती स्थापन केल्या अशें मंत्रालयान सांगलें.

बिहार 65

बिहार विधानसभा वेचणुकीत सगळ्या राजकीय पक्षांनी प्रचारात पूराय ताकद लायल्या . एनडीए आणि महाआघाडीचे स्टार प्रचारक आणि वरिष्ठ फुडारी मतदारांक आकर्षित करपाक खुपशो वेचणूक सभा आणि जाहीर सभां घेतात . प्रधान मंत्री आणि भाजपचे ज्येष्ठ फुडारी नरेंद्र मोदीनी मुझफ्फरपूरात वेचणूक सभात उलोवप करताना म्हणले की, आरजेडी आणि कॉँग्रेस केन्नाच बिहाराचो विकास करू शक ना आणि या पक्षांनी वर्षानवर्सा बिहाराचेर कठोरपणान राज्य केले पुण बिहारच्या जनतेचो विश्वासघात केलो. BYTE

ई पासपोर्ट 50

GPSP 2.0 अंतर्गत भारतीय दूतावास, अबू धाबी न नेक्स्ट-जनरेशन ई-पासपोर्ट सिस्टम सादर केली. अबू धाबी हांगा भारतीय दूतावासान 28 ऑक्टोबर 2025 पासून UAE तल्या सगळ्या भारतीय नागरिकांक एम्बेडेड चिप्पससयत ई-पासपोर्ट जारी करपी अपग्रेडेड पासपोर्ट सिस्टम सुरू करपाची घोषणा केली . नवीन ग्लोबल पासपोर्ट सेवा कार्यक्रम (GPSP 2.0) भारतीय प्रवासी समुदाया खातीर पासपोर्ट सेवांमदी एक व्हड तांत्रिक प्रगती दर्शयता.

श्रीलंका 60

भारत आणि श्रीलंका मेळुन नवी दिल्लीत शेतीवेली पयली संयुक्त कार्यगट बसका आयोजित केली. या बसकेचे सहअध्यक्ष शेती आणि शेतकरी कल्याण विभागाचे सचिव डॉ. देवेश चतुर्वेदी आणि श्रीलंकेचे शेती, पशुधन, जमीन आणि सिंचन मंत्रालयाचे सचिव डी. पी. विक्रमसिंघे आशिल्ले. दोनय वटांनी शेती यांत्रिकीकरण, सेंद्रिय आणि सैमिक शेती, बियाणे क्षेत्र विकास आणि कृषी-उद्योजकता यासारख्या प्रमुख क्षेत्रांमदी सहकार्यार चर्चा केली.

सिंधिया 40

ईशान्य प्रदेश विकास मंत्री ज्योतिरादित्य सिंधिया  नवी दिल्लीत मणिपूरच्या विकास रोडमॅपवेल्या तिसऱ्या आढावा बसकेचे अध्यक्षस्थानार आशिल्ले. या बसकेत चालू प्रकल्पांच्या प्रगतीचे मूल्यांकन करप, समावेशक विकासाखातीर नवीन संधी ओळखप आणि आत्मनिर्भर भारताच्या दृष्टिकोनाकडे राज्याच्या विकास प्राधान्यांचे संरेखन करप हाचेर लक्ष केंद्रित केले.

रणधीर 35

अमेरिकेन इराणच्या चाबहार बंदरावेल्या निर्बंधां मधल्यान भारताक  स महिन्यांची सूट दिली . नवी दिल्लीत माध्यमांक माहिती दिताना परराष्ट्र मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जयस्वाल हाणी म्हणले की, भारताक स महिन्यांच्या कालावधी खातीर सूट दिल्या आणि ही सूट २९ ऑक्टोबरपासून लागू जातली.

GST 120

नरेंद्र मोदी सरकारन खूपशा क्षेत्रांमदी जीएसटी दर कमी केल्यान, देशभरातल्या नागरिकांक  फायदो जाला  २२ सप्टेंबर सावन हो  जीएसटी बचत उत्सव सुरू जालो. नेक्स्ट जेन  जीएसटी सुदारणां खाला सरकारान ऑटोमोबायल क्षेत्रात जीएसटी उणो करून नागरिकांक व्हडली थाकाय दिल्या. जीएसटी 2.0 खाला भारताच्या पुरवण साखळीचो फाटीचो कणो आशिल्ल्या ट्रक आनी डिलिव्हरी व्हॅन सारकिल्या वेपारी वस्तूंच्या वाहनांचेर कर दर पयलीं 28 टक्क्यां वेल्यान 18 टक्क्यांनी उणो केला. ह्या निर्णयाक लागून रसद खर्च थेट उणो जाला आनी निर्यात स्पर्धा सुदारतां. तेच प्रमाण मोटार गाडयो आनी मोटारसायकल तयार करपाक वापरिल्ल्या चडशा घटकांचेरूय कर उणो करून 18 टक्के केला. ह्या निर्णयाक लागून निर्मात्यांचो खर्च उणो जालाच पूण गिरायकांक नवी गाडयो चड परवडल्यात. हाचे वांगडाच 1800 सीसी मेरेनच्या ट्रॅक्टरांचेर जीएसटी, जी पयलीं 12 टक्के आशिल्ली, आतां 5 टक्के कर स्लॅबाचो एक भाग जाला.

क्रिकेट 50

काल रातीं नवी मुंबयंत जाल्ले रोमांचक सेमी फायनल मॅचींत टीम इंडियान बलाढ्य ऑस्ट्रेलियन पंगडा आड सनसनाटी खेळ करून इतिहास रचलो आणि २०२५ च्या ICC विश्वचषक स्पर्धेच्या  अंतिम फेर येत धडक मारली. धीरान खेळपी आनी आपलो शेक दवरपी हो भारतीय बायला पंगड आता फक्त एका खेळातल्या जैतान विजयाचो मुकुट चडोवपाक तयार आसा

वेदर 40

मोंथा चक्रीवादळ उत्तर छत्तीसगडा वयल्यान उत्तरेकडेन वचून उण्या दाबाच्या वाठारांत दुबळे जावपाची शक्यताय आसा अशें भारतीय हवामान खात्यान म्हणला आयएमडीन रेड अलर्ट जारी केला. आज झारखंड, कोंकण, गोंय आनी ईशान्य राज्यांत परिस्थिती अशीच उरतली. आणि पावस पडू येता असो अदमास उक्तायला